**मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं दिश्टावो ह्या ऑनलायन ई-लर्निंग व्यासपीठाचे उकतावण**

ता. 5 ऑक्टोबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या "दिश्टावो" ( डिजिटल इन्टेग्रेटेड सिस्टम फॉर होलिस्टिक टिचिंग एण्ड व्हर्च्युअल ओरिएण्टेशन ) ह्या खास ऑनलायन शिकोवप आनी शिकपाच्या उपक्रमाचे संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा उकतावण केले.

शिकोवप आनी शिकप उपक्रमाचे कन्सल्टंट डॉ. अनिल डिंगे, राज्य उच्च शिक्षण मंडळाचे प्रोफेसर डॉ. विठ्ठल तिळवे, असिस्टंट प्रोफेसर श्रीमती वंदना नाईक आनी उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

गोंय विद्यापीठाक सलग्न महाविद्यालयांनी अभ्यासक्रमाची व्हिडिओ व्याख्यानांखातीर ऑनलायन ई-अनुक्रमणिका तयार करपा खातीर दिश्टावो हो सर्वसमावेशक कार्यक्रम आसा.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी ऑनलायन शिक्षण आयच्या काळाची गरज आशिल्ल्याचे सांगून दिश्टावो उपक्रम सुरू केल्ले खातीर उच्च शिक्षण संचालनालयाचे अभिनंदन केले. तशेंच तांणी उपक्रमाक आदार दिल्ले खातीर गोंय विद्यापीठ आनी मडगांवच्या चौगुले महाविद्यालयाचीय तोखणाय केली. उच्च शिक्षणाचो संपुर्ण शालेय अभ्यासक्रम ई-व्यासपीठाचेर उपलब्ध करपी गोंय हे पयलेच राज्य आसतले. तशेंच शिक्षकांक ऑनलायन शिकवणीचे प्रशिक्षण दिवपी गोंय हे पयले राज्य आसा. दिश्टावो चेर घाल्ल्या अभ्यासक्रमात वेळोवेळी सुदारणा करतले आनी विद्यार्थ्यी ते ऑफलायन पळोवक शकतले.

कार्यक्रमाविशीं अदीक म्हायती दितना उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर हांणी दिश्टावो तयार करपा खातीर राज्यांतल्या महाविद्यालयांतल्या 55 शिक्षकांचो पंगड तयार केला आनी हो पंगड संपादन, तपासणी आनी सुदारणा करपाचे काम करतात, अशें सांगले. आता मेरेन 3,500 व्हिडिओ तयार केल्यात आनी 1000 व्हिडिओ दिश्टाव्याचेर अपलोड केल्यात. पुराय कार्यक्रमात 1,200 शिक्षकांचो सहभाग आसा आनी गोंय विद्यापीठ आनी चौगुले महाविद्यालयाच्या स्टुडिओत हे काम चलता, अशी म्हायती तांणी दिली.

युजीसी च्या कार्यक्रमाप्रमाण 40 टक्के अभ्यासक्रम डिजिटली पूर्ण करपाक जाय. ह्या उपक्रमातल्यान विद्यार्थ्यांक चडात चड संदर्भ साहित्य मेळपाक मदत जाता.

इंटरनेटाची समस्या आशिल्ल्या विद्‌यार्थ्यां खातीर ई-मित्र उपक्रम सुरू करपाची संचालनालयाची येवजण आसा, अशेंय तांणी सांगले.

श्रीमती नाईक हांणी दिश्टावो उपक्रमाचेर प्रात्यक्षिकां दाखयली. श्रीमती सिद्धी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. डिंगे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/528

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA